Aakashvani Panaji 23 august 2025

regional news 7.25 am

Cm taxi Rashmi /ganesh 120

सरकार टॅक्सी वेवसायाविंशी खासा धोरण चालीक लायतले.जाल्यार १० संप्टेंबर मेरेन ह्या धोरणाचो मसुदो गोंयच्या टॅक्सी वेवसायिका/मुंखार सरकार दवरतले. पारदर्शक तशेंच सुरक्षित तशेंच परवडवी अशा योग्य टॅक्सी भाडेसयत येरादारीचि सोय म्हण टॅक्सी वेवसाय सुरु करपाच्या हेतान सरकार हे धोरण चालीक लायतलो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल टॅक्सी वेवसायिकांकडे बसका घेतल्या उपरांत दिल्या.Byte- pramod sawant

गोंयांत टॅक्सी एप नाका अशी मागणी टॅक्सी वेवसायिकांनी फाटल्य साबार दिसांसासंवन लावन धरल्या. सरकारान काय दिसा पयली काडील्लया कॅब एग्रीगेटर appच्या मसुद्याक लेगीत टॅक्सी वेवसायिकांनी विरोध केल्लो. तांच्या ह्या मागणेच्या फांटभुयेर काल टॅक्सी वेवसायिकांनी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी पर्वरे मंत्रालयात बसका घेतली. सरकारान गोंयचो टॅक्सी वेवसाय सामाळुन दवरपाच्या नदरेतल्यान धोरण चालीक लायले जाल्यारुच आम्ही सरकाराक तेको दितले अशे मत टॅक्सी वेवसिकांच्या जाळ/वण/दारांनी मुखेलमंत्र्यावांगडा बसका घेतल्या उपरांत व्यकत केला

Cm mhaje ghar rashmi 85

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत aayj सकाळी 10:30 वराचेंर ऑनलायन संभाशणाच्या माध्यमातल्यान म्हजे घर ह्या येवजणे विंशी गोंयकाराकडे संपर्क साधतले अशी म्हायती महसुल खात्याचे  जोड सचिव सुरेंद्र नायक हांणी दिल्या. ह्या वेळार म्हजे घर विंशी कशा पद्धतीन सरकारी, कम्युनिदाद, खासगी जागेत आशिल्ली घरा कायदेशीर जातली ते आनी , तशेंच म्हजे घर येवजणे वीशी चड म्हायती ते दितले. म्हजे घर येवजणेवरवी घरा नावार करपाक कितल्या दिसांचो  प्राज दितले,घरा कायदेशीर करपाची प्रक्रिया कशी आसतली हे विंशी ह्यावेळार ह्या कार्यावळीतल्यान म्हायती दितले. ह्या संभाशणाक चडान चड लोकांनी ऑनलायन माध्यमातल्यान हाजेरी लावची अशे आवाहन सुरेंद्र नायक हांणी केला.

---

ganeshotsav dip 75

सहकार खातें 23 ते 25 ऑगस्ट मेरेन फोंडेच्या पोरन्या बस स्टँडावेल्या श्री झरेश्वर भौशिक गणेशोत्सव मंडळ सुवातेर ‘चतुर्थी बाजार’ घडोवन हाडटा. हो चतुर्थी बाजार बचत गटांक आपलीं उत्पादनां एकाच पाख्या खाला प्रदर्शित करपाची आनी उपक्रमांक प्रोत्साहन दिवन एकामेकांकडे वळख करपाची आनी एकामेकां कडेन संवाद सादून आपल्या वेवसायीक उपक्रमांचो प्रचार करपाची संद दितली. 23 ऑगस्ट क सकाळीं 9.00 वरांचेर स्थळार नोंदणी सुरू जातली.

---

Aap Rashmi 93

हॅशटॅग बीजेपीचो बुराख ‘ हया  आम आदमी पक्षान चालीक लायिल्लया mohimek गोंयभरातल्यान बरो प्रतिसाद मेळ्ळा, जाल्यार बाबत रस्त्यची खरी म्हायती उक्ताडार आयल्या अशी म्हायती आपाचे  प्रदेशाध्यक्ष अमित पालेकार हांणी दिल्या. गोंयभरात  रस्त्याची चाळण जाल्या कारणान बाबत स्थिती जाल्या. हे विंशी आम आदमी पक्षान वेगवेगळ्या वाठारातल्या रस्त्यांच्या  सध्याच्या स्थितीचेर  उजवाड घाल्लो. अशे केल्या उपरांत सराकराक आता जाग आयल्या, आनी सरकार आता रस्त सारखे करपाचे उलोवपाक लागला , आनी  आम आदमी पक्षान आवाज काडल्या उपरांत आता पावसापयली रस्त्याच्या दुरुस्तीचे जे काम जांवक जाय आशिल्ले, ते आता सुरु जाला असो दावो पालेकार हांणी  पणजे आप  कार्येलायत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार केला.

---

red ribbon subhash 31

गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संघटनेन जिल्लो पांवड्यार आनी राज्य पांवड्यार इकरावेच्या विद्यार्थ्यां खातीर रेड रिबन क्विझ सर्त घडोवन हाडल्या. ही सर्त 8 सप्टेंबराक सकाळीं 9 वरांचेर पणजेच्या मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरांत जातली.

---

IMD 51

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडांत चड  तापमान २८ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान tapman २६  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. फुडले काय दिस हल्को व मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता

---

Sports 40

संवसारीक कुस्ती सर्तींत  काल  बल्गेरियांत वीस वर्सां सकयल्ल्या गटांत तरणाट्या बायलांचा  कुस्तीत  काजल हिणें भांगरा पदक जिखलें जाल्यार श्रुती आनी सारिका हांणी कांस्य पदकां मेळयलीं.दादल्यांच्या ग्रीक-रोमन 60 किलो विभागांत सूरज हाणें फ्रांसाचो लुकास गो ग्रासोचेर जैत मेळोवन कांस्य पदक मेळयलें